आकाशवाणी पणजी

प्रादेशिक खबरो

19.03.25 @ 7.20

महेश 180

आदले मुखेलमंत्री मनोहर पर्रीकार हांची  सोमारा पुण्यतीथ जाली . स वरसा आदि पर्रीकार सवसरांक अंतरल्या उपरांत दोन दिसांनी 19 मार्च 2019 दिसा डॉ. प्रमोद सावंत हांणी मुखेलमंत्री म्हूण सोपूत घेतलो. घटक राज्या उपरांत सगल्यांत चड काळ मुखेलमंत्री म्हूण काम करपाचो भोवमान तांका फावो जाता. गोंयचे पयले मुखलमंत्री दयानंद बांदोडकार हे 9 वरसा 111 दिस मुखेलमंत्री आशीले

घटक राज्य जावचे पयलीं प्रतापसिंह राणे सेगीत 7 वर्सां आनी 134 दीस (16 जानेवारी 1980 ते 30 मे 1987) मुखेलमंत्री आशिल्ले. घटक राज्य मेळयल्या उपरांत प्रतापसिंह राणे २ वर्सां आनी ३०१ दीस (३० मे १९८७ ते २७ मार्च १९९०) मुखेलमंत्री आशिल्ले. घटक राज्य मेळळे उपरांत दिगंबर कामत सेगीत 4 वर्सां आनी 275 दीस (8 जून 2007 ते 9 मार्च 2012) मुखेलमंत्री आशिल्ले. घटक राज्य मेळून मुखेलमंत्री म्हूण विधानसभेंत कार्यकाळ पुराय करपी दिगंबर कामत हे एकलेच मुखेलमंत्री आसा. तरी पुण कार्यकाळाचो विचार केल्यार डॉ. प्रमोद सावंत हाणी दिगंबर कामत हांचो  विक्रम मोडला. सरगेस्त मनोहर पररिकार चार फावट मुखेलमंत्री आशीलले आनी तांचो वट्ट कार्यकाळ 8 वरसा 349 दिस आशीललो. तशेच लक्ष्मीकांत पारसेकार 2 वरसा आनी 126 दिस मुखेलमंत्री आशीलले

सुशांत 160

मडगांवची सगळयांत पोरनी संस्था आशिल्ल्या मठग्रामस्थ हिंदू सभेवतीन जांबावलेच्या श्री रामनाथ दामोदर देवस्थानांत मनोवपी स दिसांच्या शिगम्याची फाल्यां २० मार्च सावन सुरूवात जातली. त्या निमतान आयज राती कोंब-मडगाव हांगाच्या सर्गेस्त पुरुषोत्तम पांडुरंग केणी हांच्या घरात शिगम्याच्या नाल्लाची पूजा जातली. फाल्यां 20 मार्चाक हो नाल्ल मिरवणूक काडून जांबावलेच्या दामोदर देवस्थानात  व्हरतले. ते उपरांत ह्या देवळांत शिशिरोत्सवाची परब सुरू जातली. जांबावलेचो फामाद गुलालोत्सव मंगळारा 25 मार्चाक

मनयतले. मडगांव हे श्री दामोदराचे मूळ स्थान अशें मानतात. बाटाबाटीच्या काळांत दामोदराची मूर्त मडगांवांतल्यान जांबावले व्हेल्ली. पुर्तुगेज येवचे पयलीं दामोदराचे देवूळ मडगावात आसतना हो शिगमो मडगावात मनयताले. आतां ते परंपरेचो एक भाग म्हूण शिगम्याच्या नाल्लाची पुजा मडगावात करतात आनी उपरांत हो नाल्ल जांबावलींतल्या दामोदर देवळांत व्हरून उत्सवाची सुरवात जाता.

ह्या निमतान शेनवार, आयतार आनी सोमार अशें तीन दीस जांबावले नाटकां जातलीं. सोमारा फांतोडेर 3 वरांचेर नाटकाची सुरूवात जातली आनी मंगळारा 25 मार्चाक गुलाल उत्सव जातलो. ते उपरांत रातच्या वेळार न्हवऱ्या-व्हंकलेचें लग्न जातलें आनी दुसऱ्या दिसा 26 मार्चाक धुळपेट जाल्या उपरांत हो उत्सव सोंपतलो.

गणेश 160

खंयचोय मंत्री बरें काम करिना जाल्यार ताका बदलपाचो अधिकार मुखेलमंत्र्यांक आसा.मंत्र्यांचे कामगिरीचो नेमान आढावो घेतात. पक्ष नेतृत्वा कडेन चर्चा करून योग्य वेळार मुखेलमंत्री मंत्रिमंडळ फेरबदला विशीं निर्णय घेतलें. मंत्रिमंडळ फेरबदला विशीं उलोपाचो अधिकार आमकां ना, अशें समाजकल्याण मंत्री सुभाष फळदेसाय हांणी पत्रकार परिशदेंत सांगले . मुखेलमंत्री म्हणून डॉ. प्रमोद सावंत हांणी ६ वर्सांचो कार्यकाळ पुराय केला. ह्या निमतान पणजेच्या कार्यालयांत पत्रकार परिशदेचें आयोजन केल्लें. ह्या वेळार आमदार दिलायला लोबो, आमदार केदार नायक आनी भाजपाच्या आयटी विभागाचे अध्यक्ष आदले आमदार सिद्धार्थ कुंकळयेंकार हजर आशिल्ले. मुखेलमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांच्या ६ वर्सांच्या कामाचो आलेख मांडलो. सेगीत ६ वर्सां मुखेलमंत्री म्हणून राज्याचो कारभार समर्थपणान सांबाळिल्ले खातीर तांकां परबीं भेटयलीं. मोपा विमानातळ, जुवारी पूल तशेंच पुराय जाल्ल्या हेर प्रकल्पांचो उल्लेख केलो. एनईपी खाला एप्रील सावन शिक्षणीक वर्स सुरू करपाक कांय पालकांचो विरोध जरी आसलो तरी खुबश्या जाणांचें फाटबळ आसा. सगल्यां कडेन चर्चा करूनच हो निर्णय घेतला. न्यायालय जो कितें निकाल दितलें ते प्रमाण शिक्षणीक वर्स सुरू करपा विशींचो निर्णय घेतले, अशें मंत्री सुभाष फळदेसाय हांणी म्हणलें.

सुभाष 130

राज्य सरकाराच्या ई-कोयरा संदर्भातल्या नव्या धोरणाच्या मसुद्याक हरकती आनी सुचोवण्यो दिवपाची मजत १५ मार्चाक सोपले उपरांत आता ह्या धोरणांक अंतीम रुप दिवपाच्या वावराक सुरवात जाल्या. गोंयात ई- कोयराचे प्रमाण बरेंच वाडला आनी ताचो विलो लावपाक येतात त्यो अडचणी पयस करपाक ह्या धोरणची गरज आसा अशें गोंय राज्य प्रदुशण नियंत्रण मंडळान सांगला. एका अदमासा प्रमाण राज्यांत दरवर्सा ७ हजार टन ई- कोयर तयार जाता. संगणक वाठारांत जावपी नवे नवे बदल तशेंच 'वापरात आनी भायर वडयात ' मानसिकतेक लागून ई - कोयराचे प्रमाण हिसपाभायर वाडटा. - कोयराचो विलो सारको जालोना जाल्यार ते पसत जावपी प्रदुशण आडावपाक शक्य जावंचे ना अशें जाणकारांचे मत आसा. गोंय राज्य प्रदुशण नियंत्रण मंडळ आनी गोंय घन कोयर वेवस्थापन मंडळ अश्या दोनूय संस्थांमदी समन्वय राखपाक लेगीत ई- कोयर विलो धोरणाची गरज आसा अशें ह्या वाठारातल्या जाणकारांचे मत आसा.

डेस्क 50

पणजी स्मार्ट सिटीचे काम केंना पुराय जातले हाची दर एका गोंयकाराक उमळशिक आसा. पणजी स्मार्ट सिटी प्रकल्पाची स्थितीचेर तुमका जाणून घेवपाचे आसलयार तुमी मुजरत आयकुंक रावात आमच्या खबरा विभागन सादर केलली पणजी स्मार्ट सिटी मिशनचे वेवस्थापकीय संचालक आनी मुखेल कार्यकारी अधिकारी संजीत रोड्रिगस हांची मुलाखत फालया सकाळी 7.30 एफ एम रेनबोचेर आनी म्हादय वाहिनीचेर सांजे 6.35 मिंटाचेर

राजेश 110

दिवचल म्हालातल्या मये तलावाक गतवैभव मेळोवन दिवपाखातीर आनी मये तलावाचो प्रचार आनि प्रसार करपाखातीर 5 एप्रिल क मये पॉलीटेक्निक खेळा मळार मये महोत्सवाचे आयोजन जातलें. गोंय पर्यटन महामंडळाच्या पालवान जावपी या महोत्सवाची सुवात निश्चित करपा खातीर हालीच मयेचे आमदार प्रेमेंद्र शेट तशेच गोंय पर्यटन खात्याचे उपसंचालक दीपक नार्वेकर आनि अधिकारी हांचीं एक जोड बसका हालींच जाली .हे बसकेत मये महोत्सवाची सुवात आनि त्याची आखणी हाचेर विचार उक्तायलें. मये मतदार संघाचे आमदार प्रेमेंद शेट हाणीं हे वेळार सांगले की मये हो एक सैमान नटिल्लो एक गाव आनि

एका काळात मये तलावाक प्राप्त आसलेले वैभव परत मेळोवपाखातीर दिवपाखातीर आनी गतवैभव प्राप्त करून दिवपाक या 5 एप्रिल क मये महोत्सवाचें आयोजन केला अशे आमदार प्रेमेंद्र शेट हाणीं सांगलें.

महेश sir 70

आकाशवाणी पणजी तातपुरत्या कराराचेर कोंकणी निवेदक पदाखतीर पात्र उमेदवारांकडल्यान अर्ज मागयता. शिक्षणीक पात्रताय  पदवी मेरेनचें शिक्षण.पिराय  FM Rainbow खातीर 21 ते 40 वर्सा कोंकणी वांगडा मराठी भाशेचें गिन्यान गरजेचें. अर्जा वांगडा शिक्षणीक दाखले तशेंच आधार कार्ड पॅन कार्ड आणी फोटो जोडचो .कामाच्या दिसांनी 11ते 1 वरां मजगती पुराय भरिल्ले अर्ज आनि परीक्षे खातीरची फी घेवन आकाशवाणी पणजी आल्तीन पणजे हांगा दिवचे. अर्ज धाडपाची निमणी तारीक:: 25 मार्च 2025 आसा.

सुशांत 190

हिंदू आनी क्रिस्तांव भाविक एकाच उमेदीन आनी भक्तीन ज्या उत्सवात वांटेकार जातात तो फातर्पेच्या श्री शांतादुर्गा कुंकळ्ळीकारीणीच्या सत्यांचो उत्सव आयज व्हड उमेदीन आनी भक्तीभावान मनयलो. ह्यावेळार भाविकांनी आदी देवतेक गुलाल ओपून उपरांत एकामेकांक रंग लावन आपली खोस उक्तायली. श्री शांतादुर्गा कुंकळ्ळीकारीण ही देवी मुळांत कुलवाडा-कुंकळ्ळी ह्या गांवांतली. पूण बाटाबाटीच्या काळांत हे देवीक लागसारच्या फातर्पे गांवांत व्हेली. त्या वेळार ज्या मार्गान देवतेक कुंकळ्ळेसावन फातऱ्या व्हेल्ली त्याच गोविंदघाट मार्गान देवतेची पालखी कुंकळ्ळे कुलवाड्यार हाडटात., ह्या सत्यांच्या दिसा देवी कुंकळ्ळेच्या आपल्या मूळ स्थानाक भेट दिवपाक येता अशे भाविक मानतात ह्या उत्सवाचें खाशेलपण म्हणजे ह्यावेळार ह्या उत्सवात हिंदू भाविकां वांगडाच मुळांत हिंदू मात उपरांत किरिस्तांव धर्मात गेल्ले कुंकळ्ळीचे क्रिस्तांव भक्तूय वांटो घेतात. आयज सकाळीं 9.30 वरांचेर फातर्पेच्या कुंकळ्ळीकारीण देवळांत ढोल-ताशांच्या गजरात होळीची पुजा जाले उपरांत शांतादुर्गा देवीक पालखींत दवरली. ते उपरांत तुतारी आनी ढोल-ताशांच्या गजरात सुवारी वादना वांगडा १२ सत्रया  मुखार आशिल्ली देवीची पालखी कुंकळ्ळे वचपाक

गोविंदघाट मार्गान भायर सरली. मल्लगिणी-सिध्दनगर, गोठण, भिवंसा, वेड्डी हांगा थांबून उपरांत दनपारां कुलवाडा-कुंकळ्ळी हांगाच्या देवीचे मूळ स्थान आशिल्ल्या तळेभाट हांगाच्या पिंपळा पेडार पालखी थांबोवन भक्तांनी देवीचे दर्शन घेतले.. ते उपरांत माड्डीकट्टे, मार्कूट, देमानी, पायराबांध, कट्टा आनी बोमडामळ हांगा थांबून देवीची पालखी आनी सत्यो परतून फातर्पे वचपाक भायर सरल्यो.

राजश्री 120

गोंय विद्यापिठाच्या करियर कावन्सिलिंग विभागा वतीन पयलेच फावटी विद्यापिठांत केंद्रीय लोकसेवा आयोगाच्या (युपीएससी) परिक्षे विशींचे वर्ग सुरू केल्ल्या अशी म्हायती कुलगुरू हरिलाल मेनन हांणी दिली. राज्यांतल्या चडांत चड तरणाट्यांनी सर्तीच्या परिक्षां कडेन वळचें हे खातिरूच विद्यापिठांत 'युपीएससी'चे वर्ग सुरू केल्यात. सर्तीच्या परिक्षांक लागून विद्यार्थ्यांक बऱ्या फुडाराची संद, नोकरी आनी अर्थीक नदरेन सुरक्षा, स्वताचो सर्वांगीण विकास सादूंक मेळटा. गोंयच्या विद्यार्थ्यांक हाचो फायदो मेळोवन दिवप हेंच ह्या वर्गाचें उद्दिश्ट आसा. पदवी मेळयिल्ल्या गोंयच्या खंयच्याय विद्यार्थ्याक ह्या वर्गांचो लाव घेवंक मेळटलो अशें मेनन हांणी सांगले.

तापमान 200

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्ले तापमान कमाल 34  किमान 24.6 डिग्री सेलसीयस. हवेतली आर्द्रता 61%  हवामान सुके आसतले आनी तापमान 34 ते 35 डिगरी सेलसीयस आसू येता आणि सकाळी काय प्रमाणात धुके पातळू येता असो अदमास वेधशाळेन उक्तायला.  गरमेच्या उबाळापासून त्रास जावचे न्हय म्हुण जतनाय घेवपाची गरज आसा. उश्णतायेक लागून हिट स्ट्रोक येवप तशेंच हेर त्रास जावपाची शक्यता आसता. गरमेच्या उबाळापासून वाचपाक हलक्या वजनाचे, हलक्या रंगाचे आनी सदळ सूती कपडे घालचे. घरात आनी खास करून रांदपाचे कुडींत हवा खेळटी उरपा खातीर दारां आनी जनेलां उकती दवरची. दनपारच्या कडार  जनेलांक पडदो कपडो वा चादर बांदची. निर्जलीकरण टाळपा खातीर  भरपूर  उदक, फळांचो ज्युस, ताक, लस्सी, वा हेर पातळ द्रव्यां पिवची.   दनपाराय कडक वतात  शक्य

तीतले भायर वचचे न्हय . सान भुरगी तशेच जाणते मनशांची चड जटणाय घेवची. भुरग्यांक दिसभर पातळ द्रव्यां दिवची . भुरग्यांक दनपारच्या वेळार वताक खेळपाक दिवचे न्हय. गरमेक लागून तकली सणसणप, घुंवळ येवप, आंगाची कात तांबडी खरखरीत जावप, स्नायु कमजोर जावप, अंगांक मुयो येवप, ओकारें येवप, काळीज धकधकप, स्वास घेवपाक त्रास जावप, मानसीक गोंधळ जावप, बेशुध्द जावप आनी हेर त्रास जाले तर त्या व्यक्तीक वारो घोळपी उकत्या जाग्यार वा थंड, सावळी आशिल्ल्या जाग्यार व्हरचे. ताच्या आंगावयले जादा कपडे काडचे. ताच्या कुडीचे तापमान देवोवपा खातीर फॅन चालू करून उदक वा झेलाच्या वल्या कपड्यान आंग पुसचे. स्वास घेवपाक चड त्रास जावप, बेशुध्द जावप अशा वेळार लागीच्या भलायकी केंद्राचेर व्हरचें.

नमस्कार आकाशवाणी पणजी केंद्राच्या प्रादेशिक खबरा विभागा वरवी राजश्री कामत तुमका प्रादेशिक खबरो दिता

- मुखेल मंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हाणी आज गोंयचे मुखेल मंत्री म्हण स वरसाचो कार्यकाल पुराय केला.
- पक्ष नेतृत्वा कडेन चर्चा करून योग्य वेळार मुखेलमंत्री मंत्रिमंडळ फेरबदला विशीं निर्णय घेतलें. अशें समाजकल्याण मंत्री सुभाष फळदेसाय हांणी म्हणला
- जांबावलेच्या श्री रामनाथ दामोदर देवस्थानांत मनोवपी स दिसांच्या शिगम्याची फाल्यां सावन सुरूवात
- राज्य सरकाराच्या ई-कोयरा संदर्भातल्या नव्या धोरणाच्या मसुद्याक हरकती आनी सुचोवण्यो दिवपाची मजत १५ मार्चाक सोपले उपरांत आता ह्या धोरणांक अंतीम रुप दिवपाच्या वावराक सुरवात जाल्या.

आनी इतल्यान हयो प्रादेशिक खबरो सोपलयो आमचे मुखावेले प्रादेशिक खबरा पत्र तुमका आयकुक मेळतले फालया सकाळी 7.25 मिनटंचेर नमस्कार